प्रादेशिक खबरो   २७.०२.२०२६ @ ७.२०

केंद्रीय वीज आणि नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नाईक हांच्या अध्यक्षतेखाल प्रधान मंत्रयांच्या विविध प्रमुख कार्यक्रमांच्या एकूण अंमलबजावणीची नियाळ बसका झाली.

नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या संकल्पा सयत आयज नशामुक्त भारत अभियानाचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं उक्तावण उक्तावण जालें.

पणजी महापालिकेच्या ३० प्रभागांखातीर ११ मार्च २०२६  क  मतदान जातले

नेटझ्सच पंप अँड सिस्टम्स इंडिया कंपनीच्या  नव्या उत्पादन सुविधेचें औपचारीक उक्तावण गोंयचे  मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केले

केंद्रीय वीज आणि नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नाईक हांच्या अध्यक्षतेखाली आज गोमती जिल्हा सर्किट हाऊस हांगा प्रधान मंत्रयांच्या विविध प्रमुख कार्यक्रमांच्या एकूण अंमलबजावणीची नियाळ बसका झाली. या बसकेक गोमती जिल्हा दंडाधिकारी रिंकू लाथेर, अतिरिक्त पोलिस अधीक्षक ऋषव आणि जिल्हयातील सगळे संबंधित विभागांचे अधिकारी उपस्थित आशिल्ले. ताचेआदी मंत्र्यांनी गोमती जिल्हा रुग्णालया क भेट दिली, जय त्यांनी दुयेतीकडे संवाद साध लो आणि रुग्णालय अधिकाऱ्यांशी चर्चा केली. त्यांच्या भेटी वेळार मंत्र्यांनी गोमती जिल्हा दंडाधिकारी कार्यालयात नव्यान बसयल्या सौर ऊर्जा प्रकल्पाचे उक्तावण केले आणि जिल्हयातल्याजवाहर नवोदय विद्यालयाक भेट दिली. आढावा बसके उपरांत माध्यमांकडे उलयताना  नाईक हाणी म्हणाले की,प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी यांच्या नेतृत्वा खाला देश २०४७ मेरेन विकसित राष्ट्र जावपाच्या ध्येयाकडे वाटचाल करता आणि गोमती जिल्हा प्रमुख कार्यक्रम राब वपाची प्रशंसनीय कामगिरी करता योजनांच्या प्रभावी अंमलबजावणीबद्दल त्यांनी जिल्हा प्रशासनाचे कौतुक केले. गोमती जिल्हयाच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यात, मंत्रयानी गुरुवारी माता त्रिपुरेश्वरी मंदिराकभेट दिली, जय त्यांनी प्रसाद योजनेअंतर्गत केल्या

विकासकामां चो आढावा घेतला. त्यांनी फुलकुमारी हांगा अंगणवाडी केंद्र क्रमांक १, माताबारी क्लस्टर लेव्हल फेडरेशन आणि माताबारी ग्रामपंचायत अंतर्गत युनिट, दक्षिण माताबारी ग्रामपंचायत अंतर्गत अगरबत्ती उत्पादन युनिट हाका भेट दिली आणि पीएम-कुसुम योजनेच्या लाभार्थ्यांशी संवाद साधला. याव्यतिरिक्त, त्यांनी डीडब्ल्यूसी जेजेएम योजनेअंतर्गत किल्ला एडीसी गावातील लुथुर पारा हांग मायक्रोग्रिड एसपीव्ही पॉवर प्लांट, सोलर पंप आणि हेर अक्षय ऊर्जा प्रतिष्ठानांची तसेच उत्तर बारमुरा गावातील छोटोघोंगराई भाग-१ हांगा आणिक आणखी एका मायक्रोग्रिड एसपीव्ही पॉवर प्लांटची पलोवणी केली

नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या संकल्पा सयत आयज बांबोळीच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमांत नशामुक्त भारत अभियानाचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं उक्तावण जालें. घुंवळें वखदांआड जागृताय, घुंवळें वखदांक प्रतिबंद आनी नशामुक्त समाज निर्माण करपाच्या कार्यक्रमांनी वाटो घेवपाक समाजाक प्रोत्साहीत करपाच्या उद्देशान भारत सरकाराच्या समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान गोंय सरकाराच्या सहकार्यान ड्रग मुक्त भारत अभियाना खाला भव्य भौशीक कार्यावळ आयोजीत केल्ली.

15 ऑगस्ट 2020 दिसा देशांत राष्ट्रीय पांवड्यार नशामुक्त भारत अभियानाक सुरवात जाल्ली. नशामुक्त भारत निर्माण करपा खातीर ह्या अभियाना खाला देशभरांत व्हडा संख्येन भौशीक उपक्रम चालू आसात. गोंयांत शिक्षणीक संस्थां, समाजीक संस्थां आनी हेर यंत्रणांच्या सहभागान घुंवळें वखदांआड जागृताय कार्यक्रमांची अंमलबाजावणी करतात. राज्याभायल्या वाठारांतल्या जावपी धुंवळें वखदांचो वेपार थांबावपा खातीर संबंदीत यंत्रणां कडल्यान कडक कारवाय जाता.

अभियानाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला केंद्र सरकार विकसीत भारत 2047 संकल्पा सयत नशामुक्त राष्ट्र निर्माण करपाच्या उद्देशान वावर करता. नशामुक्त भारत अभियानात युवकांचो सहभाग म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगून मुख्यमंत्र्यान प्रत्येक मनशान नशामुक्त समाज निर्माण करपाक योगदान दिवपाचो उलो मारलो. BYTE

तशेंच तांणी नागरिकांनी काऊसिलींग, पुर्नवसन, धुंवळें वखदांक बळी पडिल्ल्यांक व्यसन सोडपाक मजत करप, धुंवळें वखदांचो वेपार थांबोवपाक संबंदीत यंत्रणांक सहकार्य करपाची मागणी केली. धुंवळें वखदांचे व्यसन सोडून बऱ्या मार्गाक लागील्ल्या मनशाचेय तांणी अभिनंदन केले.BYTE

पणजी महापालिकेच्या ३० प्रभागांखातीर ११ मार्च २०२६ क मतदान जातले आणि सरकार निवडणूक जाव्पी वार्डातील मतदार असलेल्या औद्योगिक कामगार, सरकारी खाते आणि औद्योगिक विभागांमध्ये दैनंदिन वेतनावर काम करपी कामगार, खाजगी व्यापारी आस्थापनांमध्ये काम करणारे आणि इतर खाजगी आस्थापनांमध्ये काम करणाऱ्या सर्व कामगारांसाठी मतदानाच्या दिवशी ११ मार्च २०२६ रोजी भरपगारी सुटी जाहीर केली आहे.

भारतांत दोन दशकां सुरू जाल्ल्या कार्यावळींची परब मनयतना नेटझ्सच पंप अँड सिस्टम्स इंडिया कंपनीन आयज गोंयच्या वेर्णा उद्देगीक इस्टेटांत आशिल्ल्या आपल्या नव्या उत्पादन सुविधेचें उक्तावण जाहीर केलें. ह्या सुविधेचें औपचारीक उक्तावण गोंयचे मानादीक मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उद्देग मंत्री मौविन गोडिन्हो आणि गोवा औद्योगिक विकास महामंडळ (GIDC) चे वरिष्ठ अधिकारी यांच्या उपस्थितीत या सुविधेचे औपचारिक उद्घाटन केले

45 हजार चौखण मी. आयजीबीसी गोल्ड स्टँडर्ड प्रमाणीकरणाची गरज, छप्पराचेर सौर स्थापणूक आनी पावसाचे उदक एकठांय करपाची पद्दत पुराय करपा खातीर हो प्रकल्प तयार केला, तातूंत टिकावूपणाचेर भर दिला.

हे गुंतवणुकेक लागून उच्च दर्ज्याच्या उत्पादनाचें विस्वासपात्र केंद्र म्हूण गोंयची सुवात घटमूट जाता अशें मुख्यमंत्र्यांनी सांगलें. आत्मनिर्भर आनी विकसीत भारताच्या दृश्टीकोनाक योगदान दिवपी उद्देगांक पुराय सरकारी आदार दिवपाची खात्री तांणी दिली.

जिल्ह्यांत चालीक लायिल्ल्या केंद्रीय येवजण्यांच्या वावराचो नियाळ घेवपा खातीर स्थापन केल्ले जिल्लो उदरगत समन्वय आनी निरिक्षण समितीची म्हळ्यारच दिशा समितीची तिसरी बसका आयज मडगावच्या जिल्होधिकारी कार्यालयात जाली. ह्यावेळार राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हे बसकेचे अध्यक्ष आसले. ह्या वेळार वेगवेगळ्या केंद्रीय येवजणाे चालीक लावपाच्या कामाचो नियाळ घेतलो.

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस हांणी आयज वेगवेगळ्या खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांची आनी थळाव्या स्वराज्य संस्थांच्या अधिकाऱ्यांची बसका घेतली. अशी बसका तीन म्हयन्यांनी एक फावट जाता अशी म्हायती तानावडे हांणी उपरांत दिली.

केंद्रान जिल्ह्यांत चालीक लायिल्ल्या येवजण्यांचो फाटपुरावाे करप आनी ह्यो येवजण्यो चालीक लावपाक कसल्योय अडचणी आसात काय ना हाचेर बसकेंत चर्चा जाली. ह्या येवजण्यांचो फायदो लोकांमेरेन पावचो हे खातीर कसले उपाय करचे हाचेरय ह्यावेळार मार्गदर्शन केलें.

बुनियाद, खांबे उबारून जाल्ल्यान गवंडाळे पूलाचे लागी लागी 70 टक्के काम पुराय जालां. पिलारावेर स्लॅब घालपाचो वावर बेगिनूच सुरू जातलो, अशी म्हायती गोंय मुळाव्या सादनसुविदा उदरगत म्हामंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. थळावे आमदार राजेश फळदेसाय हांचे सयत जीएसआयडीसी आनी कोकण रेल्वेच्या अधिकाऱ्यांनी कामाची पळोवणी केली. स्तो दुरूस्त करपा सयत सुरक्षेचे उपाय घेवपाचे आदेश अधिकाऱ्यांनी कंत्राटदाराक दिल्या. पुलाच्या कामाची गती योग्य आसा. 60 ते 70 टक्के काम पुराय जालां. आता खांब्यांचेर स्लॅब घालपाचे काम सुरू जातलें. स्लॅब घातले उपरांत वयर रस्तो करचो पडटलो. मार्च, एप्रिल मेरेन पुलाचे काम पुराय जाले जाल्यार मे म्हयन्यात रस्त्यांची कामा जातली, अशें आमदार राजेश फळदेसाय हांणी सांगलें. गवंडाळी रेल्वे उड्डाण पुला खातीर 40 कोटी खर्चाची निविदा जारी जाल्या. हो पूल जाले उपरांत माशेल, आमोणा, साखळे आनी सत्तरी म्हालातल्या लोकांची खूब सोय जातली.

गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान आयतार 1 मार्च 2026 दिसा नारायणदेव देवस्थान, सुर्ला हांगा कृशी मेळावो आनी शेतकार गौरव सुवाळो आयोजीत केला. सकाळी 10.00 वराचेर सुरू जावपी कृशी मेळाव्याच्या कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं सामुदायिक शेती प्रकल्पांचे उक्तावण जातले तशेंच शेतकारांक पुरस्कार भेटयतले.

ह्या मेळाव्यात मुख्यमंत्री श्री नारायण देव शेतकरी संघटना, सुर्ला, माऊली शेतकरी संघटना, मेणकुरे, कांतोर खाजन शेतकरी संघटना, आमोणा आनी कोले खाजन शेतकरी संघटना, कुडणे ह्या शेतकरी संघटनांच्या शेती लागवड प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.

कृशी संचालनालयाचे संचालक संदीप फळदेसाय आनी विभागीय कृशी अधिकारी यशवंत गावस शेतकारांक संचालनालयावतीन शेतकारांच्या फायद्याखातीर अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती दितले आनी शेत लागवडीविशीं मार्गदर्शन करतले.

सरकार प्रक्रिया सुलभ करता, व्यवसाय सुलभता सुधारता आणि तंत्रज्ञानाच्या नेतृत्वा खाला प्रशासनाचो विस्तार करता जाका लागुन त्यामुळे देश सुधारणांच्या मार्गार चलता अशेप्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीनी म्हणला. धोरणात्मक हेतूपुरते मर्यादित नासून ही गती टिकोवन दवरपाक उत्कृष्टता प्रदान करपाचेरूय भर दिला अशे ताणी म्हळां

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन यांनी स्वातंत्र्यसैनिक चंद्रशेखर आझाद हांका त्यांच्या शहीद दिनानिमित्त श्रद्धांजली ओपली. सोशल मीडिया पोस्टत राधाकृष्णन हांणी म्हणले की, चंद्रशेखर आझाद हे फक्त क्रांतिकारी नासले तर ब्रिटीश राजवटीची बुनयाद हाद रावपी अदम्य धैर्याचे मूर्त स्वरूप आशिल्ले. आझाद हे खरेच नावाप्रमाण जगपी व्यक्तिमत्व असल्याचे अधोरेखित करताना उपराष्ट्रपतींनी नमूद केले की, हे अमर शहीद येवपी पिळग्यांक राष्ट्राच्या सेवे खातीर प्रेरणा देत रावतले.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज स्वातंत्र्यसैनिक चंद्रशेखर आझाद हांका त्यांच्या शहीद दिनानिमित्त श्रद्धांजली ओपली. एका सोशल मीडिया पोस्टत मोदीनी

म्हणाले की, चंद्रशेखर आझाद यांचे जीवन शिकयता की अन्यायाविरुद्ध ठाम रावप हो संकल्प हेच खरे  शौर्य. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणीय श्रद्धांजली ओपली

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान  ३३.६  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 21 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.